Panaji

Regional News

2 September 2026 7.20 PM

अटल आसरा येवजणेवरवी सरकारावतीन दीवपी अर्थिक मजतीतल्यान नवे घर बांधपाक 4 लाख जाल्यार पोरण्या घराची दुरूस्ती करपाक 2 लाख रूपया अर्थिक मजत दिवपाचो प्रस्ताव सरकारामुखार आसा अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या. सध्या हे येवजणेवरवी नवे घर बांधपाक देड लाख आनी पोरण्या घराची दुरूस्ती करपाक 75 हजार रूपया मेळटा अशी म्हायती मंत्री फळदेसाय हांणी सभाघराक दीली.

फाटल्या साडेचार वर्सात हे येवजणेवरवी प्रत्येक म्हालात 100 जणांक लाव मेळ्ळा अशे तांणी म्हणला. तशेंच अटल आसरा येवजणेचो लाव अर्जदार online अर्ज करून घेवपाक शकता , जांका online अर्ज करप शक्य ना ,तांका offlne पद्धतीन अर्ज उपलब्ध आसात अशी म्हायती तांणी दिली.

ह्यावेळार आमदार प्रेमेंद्र शेट हांणी मये वाठारातले अटल आसरा येवजणेतले 52 अर्ज बेगोबेग निकालात काडचे, जाल्यार आमदार निलेश काब्राल हांणी ह्या येवजणेतल्यो काय तांत्रीक चुको दुरूस्त करून सुटसुटीत आनी बेगोबेग निकालात काडपाक मेळटा अशें करपाची अशी मागणी केली.

वाढीव लायटीची बीला गोयकारांच्या बोल्साक खार घालपी थारला, सरकार हे वीशी गंभीर ना असो आरोप करीत विरधकांनी आयज सभापतीच्या आसनामुखार वचुन बोवाळ घालो. वाढीव लायटीची बीला सरकार कशी पद्धतीन नियंत्रणात हाडटलो असो प्रस्न करताना आमदार विजय सरदेसाय हांणी म्हटलें.

विरोधकांनी वाढीव लायटिच्या बीलांचो विशय आयज सभाघरात तापयले उपरांत मुखेलमंत्र्यानी जाप दिताना सांगलें.

घरगुती वीज ग्राहकाक वीजेचे स्मार्ट मीटर लागु जावचे ना, हे वीशी वीज खाते रोखडेच परीपत्रक काडटले अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दीला. जाल्यार वीज मंत्री सुदीन ढवळीकार हांणी प्रधानमंत्री सुर्य घर येवजणेचो लाव घेवन गोंयान सौरउर्जेच्या माध्यमातल्यान 103 mega vatt वीज निर्मिती केल्या अशें नदरेक हाडून दिलें. दाबोळी,साखळी आनी केपे वाठारात ही वीज वापरतात ,फुडारातुय अशा पद्धतीन उर्जा निर्मिती करतले अशे वीज मंत्र्यांनी म्हणले. ऐल निनोक लागुन हवामानात बदला जाला आनी गरमी वाडला,हाका लागुन वीजेच्या मागणेत वाढ जाला अशे तांणी फुडें सांगले.

मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हांणी शुन्य वरावेळार माती कला मंडळाची मागणी केली. गोंयांत पारंपारीक मातयेचीं आयदनां, मातयेचीं कला, कारागिरी आनी शिल्पकाम क्षेत्र उणे जाल्ल्यान मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हांणी हुस्को उक्तायलो. थळाव्या कारागिरांक अर्थीक अनुदान, कुशळटाय उदरगत, आधुनीक साधनां आनी तंत्रगिन्यान दितना गोंयच्या पारंपारीक मातयेच्या दायजाक परतून जिवीत दिवपाक आनी तिची राखण करपाक मंडळ मदत करतलें अशें तांणी सांगलें. तशेंच पर्यावरणाक अनुकूल मातयेच्या मूर्तींचो प्रचार करपाची गरज आसा आनी थळाव्या कारागिरांक आनी तांच्या उदरनिर्वाहाक आदार दिवपा खातीर जात्रा आनी प्रदर्शनां सारकिले मंच तयार करपाचीय गरज आसा हाचेरय शेट हांणी भर दिलो.

सत्तरींत खाजगी कंपनीन थळाव्या तरणाट्यांक रोजगाराची संद मेळना असो हुस्को पर्येची आमदार देवीया राणे हांणी आयज शुन्य वराक व्यक्त केलो. तशेंच आयटीआय प्रशिक्षण घेवन लेगीन गोंयकारांक ह्या खाजगी कंपनीनी तांत्रिक पदार नोकरी मेळना. साबार वर्सा काम करून लेगीत गोंयकारांकडल्यान खाजगी कंपनीनी कंत्राटी पद्धतीचेर काम करून घेतात, अशा कर्मचाऱ्यांक सेवेत कायम करचे अशी मागणी करताना तांच्यांनी म्हटलें.

राज्यातलो रोजगारांचो प्रस्न सुटावो करपाक सरकार महत्व दीता अशें म्हणीत आमदार राणे हांच्या प्रस्नाक जाप दिताना मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

बाणावलीचे आमदार व्हेन्झी व्हिएगास हांणी गांवगिऱ्या वाठारांनी ओलो कोयर रस्त्यार उडोवपाचे प्रकार वाडटा, हाचेर चिंताय व्यक्त केली. दर दिसा घराघरांतल्यान ओलो कोयर उखलप जायना. सरकारान दर दिसा कोयर एकठाय करपाक नेमिल्ल्या कामगारांक घराघरांतल्यान ओलो कोयर उखलपाची सक्ती करची, तशेंच ह्या कामाखातीर लागपी निधी उपलब्ध करून दिवचो

जाल्यार , बाणावलित सुमार २,००० घरांखातीर ओलो कोयर सद्दी उखलपाचो पायलट प्रकल्प सुरू करपाची परवानगी सरकारान दिवची, अशी मागणी व्हिएगास हांणी केल्या.

मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी रविंद्र भवन, मडगाव हांगा बूथ लेव्हल ऑफिससर्सां कडेन संवाद सादलो. ह्या वेळार उलयताना तांणी सांगलें की, भौशीक वेंचणूक करपा खातीर देड कोटी कर्मचारी नेमतात; हाका लागून भारतीय वेंचणूक आयोग ही संवसारांतली सगळ्यांत व्हडली काम करपी संस्था थारता.

तांच्यांनी वेंचणुक प्रक्रियेच्या प्रामाणीकपणाचेर भर दिलो आनी‘ स्पेशल इंटेन्सिव्ह रिव्हिजन’ चालीक लायल्यान गोंयच्या कामगिरीची तांणी तोखणाय केली; हे प्रक्रियेक लागून अपात्र नोंदी काडून उडयल्यो आनी वेंचणूक नोंदीची अचूकता घटमूट जाली. हालींच जाल्ले विधानसभा वेंचणुकेंत नोंद जाल्ल्या विक्रमी मतदानाचो उल्लेख करून वेंचणूक अधिकाऱ्यांनी पुराय पारदर्शकतायेन आनी प्रामाणीकपणान आपलीं कामां चालू दवरचीं असो उलो तांणी मारला.

टपाल खात्यान एका अधिसुचोवणेवरवी  ‘ग्रामीण डाक सेवक ऑनलायन भरती' प्रक्रियेखाला गोंय टपाल खात्यांतल्या ग्रामीण डाक सेवक पदां खातीर ऑनलायन अर्ज आपयल्या.

गोंय खात्या खातीर शाखा पोस्टमास्टर, सहाय्यक शाखा पोस्टमास्टर आनी डाक सेवक सयत वट्ट 130 पदांची अधिसुचोवणी जारी केल्या. ऑनलायन अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक 21.सप्टेंबर.2026 अशी आसा.

गोंय टपाल खात्यांतल्या जीडीएस पदां खातीर अर्ज करपी उमेदवारांनी 10वी मेरेन  कोंकणी वा मराठी भाशेचो अभ्यास केल्लो आसूंक जाय. पूण फकत मराठी शिकिल्ल्या उमेदवारांक कोंकणी भाशेंतय गिन्यान आसप गरजेचें आसा.

धावे मेरेन कोंकणी भाशेचो अभ्यास करूंक नाशिल्ल्या उमेदवारांची भाशीक कुशळटाय ‘गोंय कोंकणी अकादेमी’ वा गोंय राज्यान नेमिल्ल्या हेर खंयच्याय सरकारी प्राधिकरणान जारी केल्ल्या प्रमाणपत्राच्या आदाराचेर थारायतलें.

हवामान खात्याच्या अदमासाप्रमाण, गोंयांतल्या चडशा सुवातींनी फाटल्या २४ वरांनी मध्यम प्रमाणांत पावस पडला, फुडेंय हवामानाची स्थिती अशीच आसपाची शक्यताय असून हवामानखात्यान व्हड पावसाची शीटकावणी जारी करुंग ना.

‘चायना ओपन’ सर्तीच्या दुसऱ्या फेरयेंत भारताचे किदम्बी श्रीकांत आनी तन्वी शर्मा हांणी प्रवेश मेळयला. मजगती, कॅनडा आड हारल्यान भारताचो लक्ष सेन सर्तींतल्यान भायर पडला.